साडे स वारांचेर आयकात राष्ट्रीय खबरो

ट्रम्प- कॅनडा- 120

कॅनडाचें प्रधानमंत्री जस्टीन ट्रूडो हाणें राजिनामो दिल्या उपरांत कांय वरांनी अमेरिकेचें राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी कॅनडाक ५१वें राज्य करपाचो प्रस्ताव परत हाडलो. लोकप्रियता उणी जाल्ल्यान आपल्या सत्ताधारी पक्षाच्या वाढत्या दबावाक लागून काल कॅनडाच्या प्रधानमंत्रीन आपलो राजिनामो दिलो. ह्या वर्साच्या निमाणे कडेन सार्वत्रिक वेंचणूक जावपाची आसा.

आपल्या पक्षान नवो फुडारी वेंचून काडी मेरेन आपूण कार्यालयान आसतलो अशें कॅनडाच्या पंतप्रधानान सांगलें. राजिनामो दिल्या उपरांत कांय वरां भितर ट्रूडोक 'कॅनडा गव्हर्नर' अशें म्हणपी अमेरिकेचें राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी कॅनडाक अमेरिकेचें 51 वें राज्य करपाचो प्रस्ताव परत पुढें केलो.

सोशल मिडियाचेर घातलेल्या पोस्टांत तांणी सांगलें की, कॅनडाक दरवाड आसचो ना, कर उणो जातलो आनी अमेरिकेंत विलीन जाल्यार रशियन आनी चीनी जहाजांच्या धोक्या पासून सुरक्षीत आसतलें अशें ट्रम्प हांणी नदरेक हाडून दिला.

गडकरी बसका- 85

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपाम हांगा सगल्या राज्यांतल्या आनी केंद्रीय प्रदेशांतल्या येरादारी मंत्र्यांची बसका जाली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत गडकरी हांणी सांगलें की हो वर्सुकी मेळावो संघ आनी राज्य सरकारां मदीं समन्वय वाडोवपाक आसा. गंभीर धोरणात्मक गजालींचेर एकमेकांच्या सहकार्यान विचार करपाक आनी राष्ट्रीय प्रगती खातीर एकवटीत रणनिती मुखार

व्हरपाक हि महत्वची बसका आसा अशे तांणी सांगले. प्रादेशिक आव्हानांक तोंड दिवपाक आनी राष्ट्रभरांत परिवर्तनकारी येरादारी धोरणांची एकसारकी अंमलबजावणी करपाक अशे संवाद गरजेचे आसात अशें तांणी मुखार सांगलें.

‘गुणोत्सव 2025’ : 70

आसाम सरकारान 11 जिल्ह्यांतल्या 16 हजार सरकारी शाळांनी 1.4 लाख विद्यार्थ्यांच्या कामगिरीचें मुल्यांकन करपा खातीर राज्यव्यापी मुल्यांकन ‘गुणोत्सव 2025’चो पयलो टप्पो सुरू केलो. गुणोत्सव हो आसाम सरकाराचो एक उपक्रम, तातूंत राज्यांतल्या सगळ्या सरकारी मुळाव्या आनी माध्यमीक शाळांचो आस्पाव जाता. मूल्यमापन प्रक्रिया सुलभ करपा खातीर राज्यभर भायल्या मूल्यमापकांची नेमणूक केल्या. ह्या विविध मूल्यमापक गटांत मुख्यमंत्री, आमदार, मुख्य सचीव, म्हाविद्यालय शिक्षक, सरकारी अधिकारी आदी आसपावीत आसतले, जे भायले मूल्यमापक म्हणून शाळांक भेट दितले. तीन दिसांची ही कार्यावळ आयतारा सोंपतली.

ओमान डेलिगेशन - 260

ओमानांतल्यान आयिल्लें 300 वयर वांगड्यांचें सगळ्यांत व्हडलें भारतीय शिश्टमंडळ, 8 ते 10 जानेवारी मेरेन ओडिसान जावपी 18व्या प्रवासी भारतीय दिवस अधिवेशनांत वांटो घेवपाचें आसा. वेवसायीक फुडारी आनी नामनेचे समाजांतले व्यक्ती सयत हें प्रतिनिधी मंडळ ओमानांतल्या भारतीय समाजाच्या विविध गटांचे प्रतिनिधित्व करता. ओमानांतले भारतीय राजदूत अमित नारंग हांणी दूतावासाच्या सुवाळ्यांत प्रतिनिधी मंडळाची सुरवात केली. तांणी सहभागी लोकां खातीर तयार केल्लो खाशेलो "PRAVASI FROM OMAN" लोगो उक्तो केलो.

भारत आनी ताच्या जागतीक डायस्पोरा मदले संबंद घटमूट करपा खातीर अधिवेशनाची भुमिका महत्वाची आसा हाचेर नारंग हांणी भर दिलो. प्रवासी भारतीय दिवस हो आमच्या डायस्पोरा खातीर भारता कडेन परतून संपर्क

सादपाक आनी ताच्या उदरगतीच्या प्रवासांत अर्थपूर्ण योगदान दिवपाक म्हत्वाचो मंच आसा अशे तांणी सांगले. भारत एक जागतीक सत्ता म्हणून फुडें येता त्येना ओमानांतल्या सहभागाक लागून ओमानांतल्या भारतीय समाजाचो तांच्या मायभूंय खातीर असलेलो संबंद स्पश्ट जाता, अशे तांणी मुखार सांगले.

प्रवासी भारतीय दिवस 2025 च्या निमतान भारतीय नॅशनल आर्काइव्हस हांणी तयार केल्ले ओमानांतल्या भारतीय इतिहासाचेर भर दिवपी डिजिटल दस्तावेज दाखयतले. भारताच्या म्हत्वाच्या प्रकल्पाचेर हें प्रदर्शन आदारीत आसा, तातूंत ओमानांतल्या बऱ्याच काळासावन रावपी भारतीय वेपारी कुटुंबांच्या खाजगी संग्रहांतल्यान इंग्लीश, अरबी, गुजराती आनी हिंदी भाशेंतल्या 7000 परस चड रेकॉर्डांक डिजिटल केला. ओमानाच्या हिंदू महाजन कुटमाचें एक वरिश्ठ शिश्टमंडळ, जाचे कागदपत्र ह्या उपक्रमाचे भाग आशिल्ले, ते प्रदर्शनाक हाजीर रावतले. ओमानांतल्या भारतीय डायस्पोरा खातीर हें पयलें प्रदर्शन एक अभिमानाची खीण आसा.

ओमानी भारतीय डायस्पोराचे दोन नामनेचे वांगडी ह्या अधिवेशनांत मुखेल उलोवपी म्हणून काम करतले. गलफर इंजिनियरिंग अँड कंत्राटी एसएओजीचे उपाध्यक्ष मोहिउद्दीन मोहम्मद अली `डायस्पोरा युथ लीडरशिप` सत्रांत उलोवप करतले, जाल्यार दीपम ओडिसी अकादेमीचे संस्थापक संचालक ऐश्वर्या हेगडे डायस्पोरा संस्कृताय आनी संबंदांचेर चर्चा करपाक वांटो घेतले.

अमित शाह पोर्टल - 120

घर मंत्री अमित शाहा हाणी केंद्रीय तपास ब्युरोन तयार केल्लें भारत पोल पोर्टल आयज नवी दिल्लींन सुरू केलें. भारतपोल पोर्टलाचो हेतू इंटरपोला वरवीं आंतरराष्ट्रीय मजती खातीर केल्ल्या सगळ्या विनंतींचेर प्रक्रिया सोपी करपाचो आसा. ह्या वेळार उलयतना केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांणी सांगलें, भारतपोल आंतरराष्ट्रीय तपास नव्या पावडयार व्हरतले. आतां तपास एजन्सींक इंटरपोला कडेन जोडून गरजेची म्हायती मेळटली. ड्रग्स वेव्हार, शस्त्रांची तस्करी, आतंकवाद संबंदीत गुन्यांव हांचे संबंदीत प्रकरणां हाताळपाक मदत जातली अशें तांणी सांगलें. घर मंत्री शाहा हाणी 35 सीबीआय अधिकाऱ्यांक पुलीस पदकां भेटयली.

भारतपोल पोर्टला वरवीं कायद्याची अंमलबजावणी करपी एजन्सींक रियल टाईम म्हायती मेळोवपाक म्हत्वाची सुविधा मेळटली. सायबर-गुन्यांव, अर्थीक गुन्यांव, संघटीत गुन्यांव, ड्रग्स वेव्हार, आनी मनीस वेव्हार ह्या सारक्या पारराष्ट्रीय गुन्यांवांक तोंड दिवपा खातीर हें पोर्टल तयार केलां.

NADDA-DELHI ELECTIONS : 60

भाजपाचे अध्यक्ष आनी केंद्रीय भलायकी मंत्री जे.पी. नड्डा प्रसार माध्मायाचेर केल्ल्या पोस्टांत वेंचणूक ही देश आनी राज्य उदरगत आनी बऱ्या प्रशासनाच्या मार्गान मुखार व्हरपाचें साधन अशें नड्डा हांणी सांगलें. दिल्लीच्या लोकांच्या जिणेचो दर्जो सुदारप, भ्रश्टाचार आडावप, प्रदुशण उणें करप आनी दिसपट्टें जिवीत सोंपें करपा खातीर दर्जेदार सेवा दिवप हाचेर लक्ष केंद्रीत करपी सरकार वेंचून काडपाचो उलो तांणी केला.